**कारखाने आनी बाश्पक खात्याच्या सुरक्षा आनी भलायकी अभ्यासक्रमाचें उक्तावण**

ता. 12 नोव्हेंबर 2025

कारखाने आनी बाश्पक खात्यान "जोखमीच्या प्रक्रिया उद्देगांनी काम करपी पर्यवेक्षक कर्मचाऱ्यांखातीर सुरक्षा आनी भलायकी" ह्या विशयाचेर आयोजीत चार सप्तकांच्या प्रमाणपत्र अभ्यासक्रमाचें काल आल्तिन-पणजी हांगा खात्याच्या सभाघरांत उक्तावण जालें.

कारखाने आनी बाश्पक खात्याचे मुख्य निरिक्षक श्री. अनंत एस. पांगम हांणी अभ्यासक्रमाचें म्हत्व सांगतना कारखाने कायदो 1948 च्या कलम 41 सी खालच्या तजवीजे प्रमाण जोखमीच्या प्रक्रिया उद्देगांनी काम करपी पर्यवेक्षक कर्मचाऱ्यांखातीर सुरक्षा आनी भलायकी संबंदीत उपाय करप आनी प्रशिक्षीत पर्यवेक्षक कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करप ही प्रत्येक उद्देगाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें सांगलें.

उद्देगां खातीर प्रशिक्षीत पर्यवेक्षक कर्मचारी उपलब्ध करपा खातीर खात्यावतीन ह्या अभ्यासक्रमाचे आयोजन करपात येता, अशें तांणी सांगलें.

क्युरेटर श्री. संजय वेळीप हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी कारखाने आनी बाश्पक खात्याचे निरिक्षक श्री. प्रेमानंद व्ही. गावडे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/870

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.